**Panaji Regional**

**9th November 2025 7.20pm**

sun sand sea बरोबर आता गोंय राज्य खेळाचे केंद्र जावपाक लागला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते आज सकाळी आयरनमन ७०.३ गोवा इंडिया हाजे उक्तावण केल्या उपरांत उलयताले.

दादल्यांच्या गटात उझबेकिस्तानच्या Konstantin Belousovन जाल्यार बायलांच्या गटात ब्रिटनच्या एली गॅरेटान खिताब जिखलें.

गोंय पर्यटन खात्यान राज्यभर इंटिग्रेटेड फूड अँड बेव्हरेज सुविधांचें जाळें स्थापन करपाची येवजण जाहीर केल्या.

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या 26 व्या अखिल भारतीय साहित्य संमेलना खातीर नांव नोंदणी करपा खातीरची मुजत फाल्या सोपता.

sun sand sea बरोबर आता गोंय राज्य खेळाचे केंद्र जावपाक लागला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. आयरनमन ७०.३ गोवा भारताची पांचव्या आवृत्तीचे उक्तावण आयज मिरामार दर्यादेगेर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले. ironman सर्तीन गोंयाक खेळामळाच्या बाबतीन जागतीक पावंड्यार पावयला. ironman म्हणल्यार ही फकत सर्त न्ही जाल्यार तो fitnessक उर्बा दीवपी उपक्रम अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

ह्या सर्तीत अंदु ३3 देशांतल्या सुमार 1270 triathletesनि वाटो घेतलो. ह्यावेळार नामनेची बॉलिव्हुड अभिनेत्री सयामी खेर, आयनमेन सर्तीच संस्थापक दिपक राज, तशेंच वेवसायिक अजय खन्ना ,गोय पर्यटन खात्याचे संचालक केदार नायक तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशीलले.

ह्या सर्तीत 1.9 km स्वीमीन्ग, 21.1 km धावप आनी 90 km सायकलिंगाचो आस्पाव जाता.

गोंय राज्य आता खेळांच्या सर्तीच्या आयोजना खातीर केंद्र जावपाक लागला अशे ironman चे भारतीय आवृत्ताचे संस्थापक दीपक राज हांणी म्हळां.

दादल्यांच्या गटात उझबेकिस्तानच्या Konstantin Belousovन 4:25:47 सर्त पुराय करून जैत मेळयलें जाल्यार बायलांच्या गटात ब्रिटनच्या एली गॅरेटान 5:18:43 सर्त पुराय करून खिताब जिखलें.

एली गॅरेटान आपल्या जैता विशी उलयतना म्हळें. Byte- 39

राजकीय फुडारी तेजस्वी सूर्या आणि के. अन्नामलाई हाणीय ह्या सर्तीत वाटो घेतलो.

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या 26 व्या अखिल भारतीय साहित्य संमेलना खातीर नांव नोंदणी करपा खातीरची मुजत आता वाडोवन फाल्यां म्हळ्यार 10 नोव्हेंबर 2025 मेरेन केल्या. संमेलनाक हाजीर रावपाची इत्सा आशिल्ल्यांनी गुगल अर्जावरवी नोंदणी करची अशें आयोजकांनी कळीत केलां.

आतां मेरेन गोंयच्यान सुमार 250 जाणांनी नांव-नोंदणी केल्या. गोंया सयत केरळ, कर्नाटक आनी हेर वाठारांतले सुमार 600 प्रतिनिधी ह्या संमेलनांत वांटो घेतले अशें जाळवणदारांनी सांगलां.

26 वें अखिल भारतीय साहित्य संमेलन 22 आनी 23 नोव्हेंबराक केरळांतल्या कल्लूर-एर्णाकुलमांत ए. जे. हॉलांत जातलें. संमेलनाचें आयोजन करपाची जापसालदारकी केरळांतल्या कोंकणी संस्थांनी संयुक्तपणान घेतल्या.

गोंय पर्यटन खात्यान राज्यभर इंटिग्रेटेड फूड अँड बेव्हरेज सुविधांचें जाळें स्थापन करपाची येवजण जाहीर केल्या. भौशीक-खाजगी भागीदारी येवजणें वरवीं हो प्रकल्प चालीक लागतलो. ह्या संदर्भात सुवातो पळोवप वा तत्सम कामां सुरु जाल्यांत. पयल्या टप्प्याच्या उदरगती खातीर कोलवा हांगा 400 चौखण मिटर जमनीचो प्लॉट आनी पणजेच्या मळा हांगा आनीक 400 चौखण मिटर सुवात निश्चित केल्या. हे

दर एका हबांत खाणां-जेवणाचे हॉल, मजत कक्ष, भायल्यान बसपाची सुवात आसतली अशें खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी सांगलें. रचना पर्यावरण-अनुकूल आसतली आनी पर्यावरणाच्या सगळ्या नेमांक पाळो दितली.

खानावळ मालकाक जेवण आनी बसपा खातीर स्वताचे दर थारावपाक मेळटले, आनी तांच्या विक्री आनी कार्यावळींचे डिजिटल रेकॉर्ड दवरचे पडटले. दरेका प्रकल्पाक 15 वर्सांचो परवानो दितले, जो आनीक 15 वर्सां खातीर परतून नवीन करूं येता.

आकाशवाणी पणजीचे वतीन 'आकाशवाणी संगीत संमेलन 2025 आज सांजवेळा बांबोळे गोंय विद्यापीठांतल्या रसायनीक विज्ञान विभागाच्या सभाघरांत जाता. ह्या संमेलनांत पाश्चात्य शास्त्रीय संगीत कार्यावळींत देब शंकर रॉय आनी ज्योती शंकर रॉय हाणी व्हायोलीन वादन जाल्यार मराठी शास्त्रीय संगीत विभागांत प्राची प्रदीप जठार हाणी नाट्यसंगीत आनी कोंकणी सुगम संगीत विभागांत डॉ. शकुंतला भरणे हाणी सादरीकरणान प्रेक्षकाक मंत्रमुग्ध केले.

गोंयच्या कला मोगीं खातीर एक आगळोच कला महोत्सव फाल्या धा तारके सावन 13 नोव्हेंबर मेरेन दि आर्टिस्ट ग्रुप वतीन कला अकादमीत आयोजित केला. केरळ राज्यांतल्या 36 नामनेच्या कलाकारांचीं कला तातूंत प्रदर्शीत करतले.

भौशीक तक्रार निवारण संचालनालयाच्या कार्यालयाचे उक्तावण आनी विभागाच्या वेबसाइटचो शुभारंभ मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं फाल्या सकाळी १०.३० वरांचेर पाचव्या मजल्यावर, स्पेसेस बिल्डिंग, पाटो, पणजी हांगा जातले.

मुख्य सचिव डॉ. व्ही. कँडावेलू, आयएएस; सचिव (सार्वजनिक तक्रार), चेष्टा यादव आयएएस आणि सार्वजनिक तक्रार संचालनालयाचे संचालक प्रसाद वळवईकर हे या कार्यक्रमाला उपस्थित रावतले.

गोंय राज्यस्तरीय बँकर्स समिती (एसएलबीसी), आघाडीचे जिल्हा व्यवस्थापक (एलडीएम) आनी सगल्या भागधारक बँकांच्या समन्वयान unclaimed म्हळ्यार जाचेर कोणेच दावो करूंक ना अश्या अर्थीक मालमत्ता आनी ठेवी निवारणा खातीर उत्तर आनी दक्षिण गोंयांत बुधवारा 12 नोव्हेंबराक शिबिरां आयोजीत करतले.

दक्षिण गोंयात शिबिर सकाळीं 11:00 वरांचेर मडगावच्या बीपीएस स्पोर्ट्स क्लबांत जाल्यार उत्तर गोंयात शिबिर दनपारां 3:00 वरांचेर पणजे ताज विवंतात जातलें.

unclaimed म्हळ्यार जाचेर कोणेच दावो करूंक ना अश्या अर्थीक मालमत्तेच्या निवारणा खातीर ही तीन म्हयन्यांची मोहीम भारत सरकाराच्या अर्थ मंत्रालयान ऑक्टोबर ते डिसेंबर 2025 मेरेन Your Money, Your Right हे संकल्पने खाला सुरू केल्या. बँक ठेवी, विमो दावे, म्युच्युअल फंड उत्पन्न, लाभांश, शेअर्स इत्यादी unclaimed वित्तीय मालमत्ता परत मेळोवपाक नागरिकांक मदत करप हो हे

मोहिमेचो उद्देश आसा. अनेकदा माहिती अभावी किंवा कालबाह्य खात्याच्या तपशीलांक लागून ही रक्कम दावो करि नासतना उरता.

नोव्हेंबरांत शिंयाच्या दिसांक ल्हवू ल्हवू सुरवात जाल्या. गोंयांत फुडले पांच दीस वातावरण सुके उरून दाट धुकें पातळपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण, गोंयांत चडांत चड तापमान खूब प्रमाणांत देंवलां. गोय वेधशाळेन नोंद केल्ल्या प्रमाण आज पणजे चडांत चड तापमान 32.6 डिग्री सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान 22.5 डिग्री सेल्सियस जाल्यार मुरगावा चडांत चड तापमान 31.2 डिग्री सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान 23.6 डिग्री सेल्सियस इतले नोंद जाला. फुडले पांच दीस चडांत चड तापमान 32 डिग्री सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान 24 डिग्री सेल्सियस हांचे मदीं घोळपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

पणजी जिमखानान आयोजित केल्ली बांदोडकार करंड नॉक आक्ट क्रिकेट सर्त 11 नोव्हेंबरा सावन सुरवात जातली. पावसाक लागून आयोजकांनी सर्तीचें आयोजन मुखार धुकलिल्लें. 11वेर सकाळीं 9.15 वरांचेर शटलर्स क्लब आनी यंग स्टार्स ऑफ मौळा हांचे मदीं मॅच सुरू जातली. दुसरी मॅच दनपारां 1.30 वरांचेर पॅरामावण्ट स्पोर्ट्स क्लब आनी कांदोळी असोसिएशन ह्या पंगडां मदीं मॅच जातली. सर्तींत 26 पंगडांनी वांटो घेतला. वस्तादपण मेळोवपी पंगडाक 50 हजाराचें इनाम आनी बांदोडकार करंड जाल्यार उप वस्ताद पंगडाक 25 हजार आनी करंड भेटयतले.